# महात्मा गांधी जयंती निमतान राज्यपालाचो संदेश

ता. 1 ऑक्टोबर 2025

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी महात्मा गांधी जयंती निमतान गोंयच्या लोकांक परबीं दिल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, गांधी जयंतीच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक आनी सगळ्यां भारतीयांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं दिता. हो दीस संवसारात आंतरराष्ट्रीय अहिंसा दीस म्हूण पाळपात येता. आयज आमी राष्ट्रपीता महात्मा गांधी हांकां आर्गां ओपतात, जांची जीण आनी सत्य, शांतीकाय आनी अहिंसेचो संदेश मानवजातीक सदाच प्रेरणा दिता.

महात्मा गांधीजीन खरी शूरताय न्हय ताकद वा आक्रमणात आसता, जाल्यार कित्ये न्याय आनी बरोबर आसा हे सहनशीलताय आनी नैतिकतायेच्या ताकदीन उखलून धरपाच्या सामर्थ्यात आसता हे सिद्द केला. दुस्वास वा हिंसेबगर, सत्य, प्रेम आनी दयाळूपणाच्या तत्वांवरवीं खूब बदल घडोवप शक्य आसा हे तांणी जगाक दाखोवन दिला. तांचो वारसो आमकां उगडास करून दिता, की शांतीकाय ही दुबळेपण न्हय, जाल्यार व्हड ताकद जावन आसा.

आसपावीत विकास हो तांचो दिश्टीकोन तितलोच म्हत्वाचो आशिल्लो. गांधीजी खातीर देशाच्या प्रगतीची मोलावणी न्हय फकत आर्थिक बाबतीत जाल्यार देशातल्या गरीब मनशाच्या कल्याणा बाबतीत आशिल्ली. विकास हो न्याय्य, योग्य आनी सर्वसमावेशी आसपाक जाय, हो तांचो भावार्थ आशिल्लो, जो आयज आमचे खातीर मार्गदर्शक जावन आसा.

जग असहिश्णुताय आनी मतभेदाच्या समकालीन आव्हानांक फुडो करीत आसतना, गांधीजींचे तत्वज्ञान संवादा वरवीं मतभेद सोडोपाची, समजीकायेन विशमता पयस करपाची आनी विविधतायेचो आदर करून एकजूट मजबूत करपाची वाट दाखयता.

गांधी जयंतीच्या ह्या प्रसंगार आमी स्वता तांच्या तत्वांकडेन पुनर्समर्पित जावया. आमी आमचे विचार आनी कृतींनी अहिंसेचो मार्ग आपणावया, आमच्या सगळ्यां प्रयत्नांनी सत्याचो मार्ग आपणावया आनी न्याय्य, आसपावीत आनी शांतीकायेन भरिल्लो समाज निर्माण करपा खातीर एकवटान काम करूया. अशें करून आमी गांधीजींच्या सपनाचो सन्मान करूया आनी समतोल आनी मायेस्त फुडाराखातीर एकवटान वावर करपाच्या जापसालदारकी कडेन कटीबद्द जावया, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/799

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.